## श्री. तेंडुलकर आनी श्री. शांताराम नाईक हांणी

## राज्यसभेखातीर उमेदवारी अर्ज भरले

दि. 11 जुलय 2017
20 आषाढ 1939

भारतीय जनता पक्षावतीन श्री. विनय तेंडुलकर आनी कॉंग्रेस पक्षावतीन श्री. शांताराम नाईक हांणी आयज राज्यसभेच्या जागेखातीर उमेदवारी अर्ज भरलो.

गोंयात एकमेव राज्यसभा जागेच्या वेंचणूकेखातीर सचीव श्री. एन. बी. सुभेदार आनी विधिमंडळ जोड सचीव श्रीमती नम्रता उल्मन हांची निर्वाचन अधिकारी आनी पालवी निर्वाचन अधिकारी म्हुण नेमणूक केल्या.

फाल्या 12 जुलयाक मुख्य निर्वाचन अधिकारी श्री. कुणाल हांचे उपस्थितीत उमेदवारी अर्जांची छाननी जातली.

अर्ज फाटी घेवपाची निमणी तारीख 14 जुलय आसा आनी ता. 21 जुलयाक सकाळी 9.00 ते 4.00 मेरेन विधानसभा प्रकल्पात मतदान जातले आनी उपरांत 5.00 वरांचेर मतमोजणी जातली. सगळे विधानसभा वांगडी मतदानाक पात्र आसात.